गोंय सरकार
म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें
पणजी-गोंय

पत्रक

**मांड संस्कृती संवर्धन येवजणेखातीर अर्ज मागयता**

ता. 22 नोव्हेंबर 2018
1 मार्गशीर्ष 1940

गोंय सरकाराच्या कला आनी संस्कृती संचालनालयान गोंय मांड संस्कृती संवर्धन येवजण अधिसूचित केल्या. लोककलांच्या संवर्धनाखातीर ही येवजण तयार केल्ली आसून हया येवजणेखाला जागोर, रणमाले, कालो, पेरणी जागोर, तालगडी, तोणयामेळ, शिगमोवादन (चाळे/नमन, जती गायन) गोफ, धालो-फुगडी तशेंच लोकगीतां (लग्नगीतां, जात्यावयल्यो ओव्यो, गुडुल्या गाणी आनी हेर), लोकसंगीत (सुवारी वादन, घुमट वादन, समेळ वादन, ढोल वादन) आनी हेर गोंयच्या लोककला प्रकारांचो आस्पाव आसा.

कला आनी संस्कृती संचालनालय वयल्या लोककलांचे पुर्नजीवन आनी संवर्धनाखातीर सगळे तरेचे आर्थिक मदत करतले. हया येवजणेखाला गावांतल्या धा वर्सां पिरायेवयल्या इत्सूक लोककलाकारांक एका वर्साच्या काळात मांड गुरूकडल्यान (तज्ञ शिक्षक) आपल्याक जाय त्या लोककलेचे शिक्षण घेवपाक मेळटले. हया खातीर गावांतल्या कमीतकमी 20 लोककलाकारांक आठवडयातल्यान पाच दीस सुमार दोन तास आपल्या गुरूकडल्यान लोककला प्रकार शिकून घेवचे पडटले. हया येवजणेखाला अर्ज करपाक इत्सूक आशिल्लो मांडपंगड तीस वर्सानी पोरणो आनी तांणी लोककलेची परंपरा आयजमेरेन चालू दवरिल्ली आसपाक जाय. हया खातीर देवस्थान समितीचो ना हरकत दाखलोय दिवपाची गरज आसा. मांड गुरू, तांचे सहाय्यक तशेंच प्रशिक्षणार्थी लोककलाकरांचे म्हयन्याचे मानधन, वाद्य खरेदी, वेशभूशा आनी मांडाक सुविधा उपलब्ध करपाखातीर कला आनी संस्कृती संचालनालय आर्थिक मदत करतले.

हया येवजणेचे विहित नमुन्यातले अर्ज आनी हेर म्हायती खातीर कला आनी संस्कृती संचालनालय, संस्कृती भवन, पाटो-पणजी, रविंद्र भवन मडगांव, रविंद्र भवन कुडचडे, रविंद्र भवन सांखळी, रविंद्र भवन वास्को आनी राजीव गांधी कला मंदिर फोंडे हांगा संपर्क करचो.

मा/सप/जीपीपी/जॉआ/विगां/सुसुका/2018/1752